## **पीएम किसान सन्मान निधीचे हस्तांतरण**
## **प्रधानमंत्र्यान गोंयच्या शेतकाराकडेन संवाद साधलो**

ता. 9 ऑगस्ट 2021

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी आयज प्रधानमंत्री किसान येवजणेखाला देशभरातल्या 9.5 कोटी शेतकारांच्या बँक खात्यांत रू.19.5 हजार कोटीं किसान सन्मान निधीचे हस्तांतरण केले. किसान सन्मान निधी हस्तांतरण कार्यक्रम व्हर्च्युअल पद्दतीन जालो. गोंयांत हो कार्यक्रम पळोवपाखातीर मडगांवच्या माथानी साल्डाना प्रशासकीय प्रकल्पात व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगची वेवस्था केल्ली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे ह्या कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले. दक्षीण गोंयांतली एक बायल शेतकार श्रीमती प्रतिभा वेळीप हांचेकडेन प्रधानमंत्र्यानी संवाद साधून राज्यांत ल्हान शेतकांराकडल्यान करपात येवपी शेती वेवसायासंबंदी म्हायती जाणून घेतली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या सयत उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर, एनआरआय वेव्हार आयुक्त आनी ऊस उत्पादक समितीचे अध्यक्ष एड. नरेंद्र सावईकर, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती रूचीका कटयाळ कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ल्यो.

श्रीमती प्रतिभा वेळीप हांचेकडेन संवाद साधतना शेती वेवसायात आधुनीक पद्दतीचो अवलंब केल्लेखातीर प्रधानमंत्र्यानी श्रीमती वेळीप हांचे अभिनंदन केले. प्रधानमंत्र्यानी शेतकारांक सन्मान निधीचो उपेग उत्पादन वाडोवपाखातीर करपाक सांगलें. ल्हान शेतकारांक आर्थिक मदक करपा खातीर किसान सन्मान निधी येवजण सुरू केल्ले खातीर श्रीमती वेळीप हांणी प्रधानमंत्र्यांचे उपकार मानले.

सुरवातीक केंद्रीय कृशीमंत्री श्री. नरेंद्र सिंग तोमर हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात ल्हान शेतकारांची सर्वांगीण उदरगत आनी देशाच्या अर्थवेवस्थेच्या वाडिक प्रधानमंत्री किसान येवजणेचो मोठो हातभार लागतलो म्हणपाचे सांगलें.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/657

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji